<u>**डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्या**</u>

ता. 24 मार्च 2021

गोंय राज्य सरकाराच्या समाज कल्याण संचालनालयान 25 वर्सां वा चड काळ अनुसूचीत जातीच्या कल्याणाखातीर काम करपी व्यक्तिंकडल्यान डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्काराखातीर ( पयलीचो दलीत पुरस्कार आनी दलीत मित्र पुरस्कार ) अर्ज मागयल्यात. 14 एप्रिल 2021 दिसा डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जयंती दिसा रोख 25,000/- रूपया, शाल, श्रीफळ आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात पुरस्कार भेटयतले.

अनुसूचीत जातीतल्या घटकांचो सामाजिक, आर्थिक, शिक्षणीक आनी सामान्य जीणेचो दर्जो वाडोवपाखातीर काम करपी व्यक्तिंक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. ह्या पुरस्काराखातीर 60 वर्सां पिरायेवयली गोंयकार व्यक्ती अनुसूचीत जातीच्या कल्याणाखातीर फाटली 25 वर्सां काम करपी आसपाक जाय .

इत्सूक व्यक्तिंनी अर्ज आनी चड म्हायती खातीर पालवी संचालक, समाज कल्याण संचालनालय फोन नंबर 0832-2223784/2232257 चेर कामाच्या वेळेंत संपर्क करचो. पूर्ण भरिल्ले अर्ज आवश्यक दाखल्यांसयत स्वीकारपाची निमाणी तारीख 31 मार्च 2021 आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/349

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji